**एससी/ओबीसी/ईबीसी समाजाखातीर काम करपी बिगर सरकारी संस्थांखातीर येवजण्यों**

ता. 27 मे 2022

एससी/ओबीसी/ईबीसी समाजाची उदरगत आनी कल्याणाखातीर काम करपी बिगर सरकारी संस्थांक अर्थीक मदत करपा खातीर केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सबलीकरण मंत्रालयावतीन साबार येवजणांची अंमलबजावणी करपात येता. ओबीसी/डीएनटी/ईबीसी समाजातल्या युवकांची कुशळटाय विकासा खातीर मदत, एससी समाजातल्या युवकांची सामाजीक-आर्थिक आनी शिक्षणीक परिस्थिती सुदारपा खातीर काम करपी आपवावूरपी संस्थांखातीर अर्थीक मदत आनी अशां हेर येवजणांची मंत्रालयावतीन अंमलबजावणी करपात येता.

अशां येवजणांखाला अर्थीक लाव घेवपा खातीर संबंदीत संस्था/संघटनांनी केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सबलीकरण मंत्रालयाच्या www.socialjustice.gov.in. ह्या व्हेबसायटीचेर भेट दिवची वा समाज कल्याण संचालनालय, एससी/ओबीसी कल्याण विभाग, पणजी गोंय हांगा 0832- 2232257 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो, अशें समाज कल्याण संचालनालयान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/363

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji